# उत्कृश्ट प्रशासनाखातीर प्रामाणिकपण, तत्परताय आनी पारदर्शकताय आवश्यक- मुख्यमंत्री

28 ऑक्टोबर 2024

उत्कृश्ट प्रशासनाखातीर प्रामाणिकपण, तत्परताय आनी पारदर्शकता आवश्यक आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज दक्षताय संचालनालयान पर्वरी सचिवालयांत आयोजीत कार्यक्रमात "दक्षताय जागरूकताय सप्तक 2024" चे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें. लोकांक बरें आनी परिणामकारक प्रशासन दिवपा खातीर प्रामाणिकपण आनी समर्पित भावनेन अधिकाऱ्यांनी काम करपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

कर्तव्यां आनी नीतिमुल्ल्यांचे पालन न जावप, भ्रश्टाचार अशां गजालींक लागून लोकांक बरें प्रशासन दिवपाक आडखळीं येतात. हालीच्या दिसांनी सरकारी नोकरी मेळोवन दिवपा बाबतीत पैशांचो वेव्हार जाल्ल्याची प्रकरणां उक्ताडार येवपाक लागल्यात. अशां प्रकरणांनी हात आशिल्ल्या मनशांआड तशेंच अधिकाऱ्यांआड खर कारवाय करपात येतली. पदांची भरती आनी हेर सरकारी कामांनी हस्तक्षेप करपी तिसऱ्या मनशापासून सरकारी अधिकाऱ्यांनी जागरूक रावपाची गरज आसा. जशें आमी दिवाळीच्या आदी नरकासूराची प्रतिमा जाळून वायट प्रवृत्तीचो नाश करतात ते प्रमाण आमी ह्या दिवाळीच्या उत्सवाच्या प्रसंगार भ्रश्टाचार निर्मुलनाखातीर वावर करपाचो सोपूत घेवया, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलेँ.

गोंयांक भ्रश्टाचारमुक्त राज्य करपा खातीर प्रत्येकान ,न खाऊंगा, न खाने दुंगा, ह्या नीतिमूल्यांचे पालन करपाक जाय. लोकांक सेवा दिवपाक कळाव करप हो लेगीत एक प्रकारचो भ्रश्टाचार आसा ते खातीर अधिकाऱ्यांनी लोकांक सेवा दितना तत्परताय दाखोवपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

प्रधान सचीव (वित्त) डॉ. व्ही. कांदेवेलू हांणी भ्रश्टाचार निर्मुलना खातीर सरकारी अधिकारी, खाजगी क्षेत्रांतले अधिकारी आनी लोकांनी एकवटान कृती करपा बाबतीत जागृताय करपा खातीर दक्षताय जागृताय सप्तक मनोवपात येता, अशें सांगून लोकांनी भ्रश्टाचार टाळपा खातीर आपलो वेव्हार ई-सेवेवरवीं करपाचो सल्लो दिलो. सरकारान आपल्यो अनेक सेवा ऑनलायन उपलब्ध केल्ल्यो आसून सरकारी कचेरींनी फावटीं घालीनासतना ह्या सेवांचो लाव घेवपाक जाता, अशें तांणी सांगलें.

दक्षता खात्याच्यो संचालक कु. यशस्वी बी. हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात, ह्या वर्सा दक्षताय जागृताय सप्तकाची संकल्पना ,राष्ट्राच्या भरभराटी खातीर सांस्कृतीक एकात्मता, अशी आशिल्ल्याचें सांगून भारताचे पयले गृहमंत्री आनी भारताचे लोहपुरुष म्हूण वळखूपात येवपी सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या तत्वांकडेन ही संकल्पना जुळटा, अशें सांगलें. तशेंच तीणे देशाच्या विकासाखातीर प्रत्येकान प्रामाणिकपण आनी तत्परतायेन आपले कर्तव्य निभावपाचो उलो मारलो.

पुलीस अधिक्षक श्री नेल्सन अल्बुकर्क आनी दक्षताय संचालनालय आनी हेर विवीध खात्यांचे अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/589

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.